

# हती आनी मानगें

मॅक्स वेलथुयज्स

कोंकणी अणकार – स्नेहा सबनीस



बाबड्या हतीक आपल्या शेजारी मानग्याच्या वायोलीनाचें संगीत आयकून दीस काडचे पडटात. आनी मानग्याच्या संगिताक मातूय लय ना. पूण एक दीस हती तुतारी वाजोवपाक शिकता. तेन्ना मानग्याक आपलें वायोलीन आयकुपाकूच येना. निमाणें तांच्या मदीं समजिकाय जाता. तांच्या दोगांच्या जिवितांत सूख आनी सामंजस्यपणां येता. हें पुस्तक दोन झगडाळू शेजाऱ्यांची काणी बेस बरे तरेन मांडटा.



# हती आनी मानगें



मॅक्स वेलथुयज्स

कोंकणी अणकार – स्नेहा सबनीस



कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय





मानगें एक संगीतकार आशिल्लें. तें वायोलीन वाजयतालें. दीस-रात फकत वायोलीनाचो सराव करतालें. तातूंत ताका खूब समाधान मेळटालें.

दुसरे वटेन, ताच्या शेजाऱ्याक तें मातूय आवड नासलें. एकूच धून परत परत चुकीच्या स्वरांत आयकून हती बेजारिल्लो.



एक दीस हतीच्यान सहन जायना जालें. तो कागाळ घेवन मानग्याच्या घरा पावलो.




पूण आपूण एक संगीतकार अशें मानग्यान म्हणलें. “हांव संगिता शिवाय रावपाकूच शकना!” मानग्यान हतीक म्हणलें.

बाबडो हती दुख्खी जावन घरा परतिलो.

सांजे मानग्यान परत वायोलीन वाजोवपाक सुरवात केली. सदचे वरी बेसूर पद्धतीन तें वायोलीन वाजयतालें.



आनी हें अशेंच चलत रावलें.

मानगें बेसूर वायोलीन वाजोवप आनी हतीक तिडक मारप.

आतां हतीक पुस्तक लेगीत वाचपाक मेळना जालें.

ताका न्हिदपाक लेगीत मेळना जालें.



खरें म्हणल्यार हतीचे जिणेंतली सगळी खोशी नाच्च जाल्ली आनी जिवाक बरें नाशिल्ल्यान तो दोतोरा कडेन गेलो.

दोतोरान ताका शांत वातावरणांत रावपाक सांगलें आनी थोडीं वखदां दिलीं. पूण घरांत भितर वताच मानग्याचें बेसूर वायोलीन वादन ताका आयकुचें पडटाले.

मानग्या वरी कलाकार जावप कितले सोंपें, हतीन विचार केलो.




आनी मागीर अचकीत, हतीक एक विचार आयलो. अरे हय! कोणाक खबर, म्हज्याय भितर एक संगीतकार लिपला आसत!

हती उमेदीन शारांत गेलो आनी स्वता खातीर एक पितूळची तुतारी (ट्रम्पेट) घेवन आयलो.

ताका ल्हानपणांतल्यान तुतारी वाजोवपाक येताली.




तेच सांजेर हतीन तुतारीचो सराव करपाक सुरवात केली.

अरे वा! कितली मजा येता.


हती आपल्या स्वताच्या संगिताचे कुशळटायेन अजापीत जालो. तो राती उसरां मेरेन तुतारी वाजयत रावलो.



मानग्यान अकस्मात आपल्या शेजराक असो आवाज आयकलो आनी ताका धक्कोच बसलो. तें तेन्ना मोजार्टान शिकयल्ले प्रमाण वायोलीनाचो सराव करतालें.

“हें आनी किदें?” मानग्यान रागान म्हणलें.

हती तकलेन सुटला दिसता! तें कागाळ करपाक हतीगेर पावलें.



“हो आवाज बंद कर!” मानग्यान रागान म्हणलें. “तूं म्हज्या संगिताची वाट लायता.”

पूण हती मातूय भिवंक ना.

“म्हज्या मोगाळ मानगें,” ताणें म्हणलें. “म्हाका माफ कर. हांवूय तुजे वरीच एक कलाकार. हांवूय तुजे भाशेन तुतारी वाजयले शिवाय रावपाक शकना."



बाबडें मानगें, आतां संगिताचो सराव करपाक शकनासलें. हतीच्या तुतारीचो आवाज चड मोटो आशिल्लो.

मानग्याक त्या आवाजा फुडें वायोलीनाचो आवाज आयकूंक येनासलो.




दुसरी कडेन हती खुशालभरीत आशिल्लो.

आपले भितरले संगीत प्रतिभेच्या सोदान ताका पुरायपणान बदलिल्लो. ताणें आपले केंस वाडयल्ले आनी रंगबिगंरी कपडे तो घालतालो. ताका लागून तो लोकांच्या दोळयांत येवपाक लागलो.

आतां ताका तुतारी वाजोवपाक आनीक मजा येवपाक लागली.



एक दीस, मानग्यान दोन मोटीं धांपणीं घेवन एकामेकांचेर मारून व्हडल्यान आवाज करून हतीच्या तुतारीचो आवाज बंद करपाचो यत्न केलो.




म्हणल्यार आतां हतीक तुतारींत पयलीं परस चड नेटान फूंक मारची पडटाली. अशे रितीन दोनूय शेजारी एकामेकांक त्रास दिवपाक लागले.






निराश जावन मानग्यान आपल्या हायड्रॉलीक ड्रिलाचो वापर करून एक भयानक आवाज करपाक सुरवात केली.

हतीक तो आवाज सहन जायना जालो. त्या आवाजान बाबडो हती जमनीर कोसळ्ळो.



हतीक दिसलें, ह्यावेळार मानग्यान आपली शीम हुपल्या.




मागीर हतीन आपलो मोटो तुतयो घेतलो आनी तो वणटीर नेटान आपटत रावलो.



मोव्या तुतयेचो वार वणत चड काळ सहन करूंक शकली ना. धडाम! वणत नेटान कोसळळी. दोनूय कलाकार एकामेकांच्या मुखार उबे आशिल्ले आनी दोगांकूय अजाप जाल्लो.

“म्हाका हें करपाचें नाशिल्लें,“ हतीन भीत भीत म्हणलें. “हांव तुका एक कप च्या पिवपाक दिवं?"



उपरांत दोगूय शेजारी बसून च्या पिले आनी तांणी संगिता विशीं आशिल्लो मोग एकामेकांक सांगलो.

“हांव जाणां!” हतीन म्हणलें. “आमी दोगूय मेळून संगीत किद्याक वाजोवपाक शकना?”


“कितलो बरो विचार हो!” मानग्यान म्हणलें.

वणटीच्या ढिगाऱ्या पोंदा पडिल्लें वायोलीन मानग्यान हाडलें.



मागीर दोगांनी मेळून संगिताचो सराव केलो. दोगांची लय, धून, सूर एकदम सारके लागताले. एक, दोन, तीन, चार!

तीं दोगांय वरांचीं वरां संगीत सराव करपाक लागलीं. तीं सप्तकभर संगीत वाजयत रावलीं. तीं कुशळ जायत रावलीं. तांचें संगीत सामकें गोड आशिल्लें.



बेगिनूच तीं आपल्या दुयेत गितां खातीर संवसारभर फामाद जालीं. तीं दोगांय खोशयेन रावपाक लागलीं.

तांणी ती तुटिल्ली वणत परत बांदली ना.

कारण आतां तांकां ताची गरजूच लागली ना.



समाप्त